वेंचणूक प्रक्रिया प्रशिक्षण आनी जागृताय कार्यक्रम

ता. 15 ऑक्टोबर 2026

2027 वर्सा जावपी गोंय राज्य विधानसभा वेंचणूकेच्या फांटभूंयेर दक्षीण गोंय जिल्हो निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कार्यालयावतीन मतदांर आनी वेंचणूक प्रक्रियेकडेन संबंदीत आशिल्ल्या खातीर मतदान प्रक्रिया आनी ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांच्या कार्याविशीं प्रशिक्षण आनी जागृताय कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले.

दक्षीण गोंयांत जिल्हो निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कार्यालयात आनी तालुका मुख्यालयांनी ईव्हीएम प्रात्यक्षीक केंद्रां स्थापन करपात येतली. ह्या केंद्रांनी मतदांर आनी वेंचणूक प्रक्रियेकडेन संबंदीत आशिल्ल्या खातीर मतदान प्रक्रिया आनी ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची प्रात्यक्षीकां करून दाखयतले.

तशेंच विधानसभा मतदान केंद्रां, भौशीक जागे, बाजार आनी शिक्षणीक संस्थांच्या सुवातांचेर ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची प्रात्यक्षीकां आनी जागृताय करपा खातीर मोबायल प्रात्यक्षीक वाहन दवरतले.

मजगती, प्रशिक्षण आनी जागृताय कार्यक्रमाक कालच्यान सुरवात जाल्ली आसा आनी हो कार्यक्रम विधानसभा वेंचणूकेची तारीख जाहिर जाय मेरेन चालू उरतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/648

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.